PRADESHIK खबरो

06.10.2025 @ 7.20 pm

- राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू यांनी आज राष्ट्रपती भवनात २०२२-२०२३ या वर्सा खातीरचे म्हजो भारत - राष्ट्रीय सेवा योजना NSS चे ४० पुरस्कार प्रदान केले
- गोंय सरकार शिक्षण आनी कुशळटाय विकासा वरवीं आपल्या कामगारांक सशक्त करपाक, शिकपाची आनी फुडें वचपाची नवी संद सुनिश्चीत करपाक कटिबद्ध आसा अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला.
- संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंह फाल्या नवी दिल्लीत देशातल्या संरक्षण उत्पादनातल्या संधींचेर राष्ट्रीय स्तरावेल्या परिषदेचे उक्तावण करतले
- कला आनी संस्कृती संचालनालय, गोंय आनी भारतीय सांस्कृतीक संबंद मंडळ (आय सी सी आर) संयुक्तपणान 7 oct बराक धावो भारत आंतरराष्ट्रीय लोक महोत्सव 2025 घडोवन हाडटले

## Murmu

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू यांनी आज राष्ट्रपती भवनात २०२२-२०२३ या वर्सा खातीरचे म्हजो भारत - राष्ट्रीय सेवा योजना NSS चे एनएसएस युनिट्स आणि त्यांचे कार्यक्रम अधिकारी आणि एनएसएस स्वयंसेवकांक ४० पुरस्कार प्रदान केले. युवा व्यवहार आणि खेळा मंत्रालय, दरवर्सा एनएसएस स्वयंसेवक, युनिट्स आणि कार्यक्रम अधिकाऱ्यांच्या सामुदायिक सेवा आणि राष्ट्र उभारणीत अपवादात्मक योगदानाची दखल घेवपाक राष्ट्रीय सेवा योजना पुरस्कार प्रदान करता. केंद्रीय युवा व्यवहार आणि खेळा मंत्री डॉ. मनसुख मांडवीय यावेळार उपस्थित आशिल्ले.

## RPL STT

RPL STT उपक्रमांतल्यान गोंय हावसिंग आनी प्रादेशिक उदरगत म्हामंडळ (GHRDC), मेधावी कौशल्य विद्यापीठ, आनी बीव्हीजी कौशल्य अकादेमी हांचे मदीं गोंय सरकारान मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांच्या अध्यक्षतायेखाला कबलात केल्या. GHRDC कर्मचाऱ्यांक आपलें अपूर्ण शिक्षण पुराय करपाक, कुशळटाय प्रमाणपत्रां मेळोवपाक आनी उच्च अभ्यास, स्पर्धात्मक परिक्षा आनी करिअर वाडपा कडेन प्रगती करपाक सक्षम करपाच्या

नदरेतल्यान सरकारान हो उपक्रम चालीक लायला. गोंय सरकार शिक्षण आनी कुशळटाय विकासा वरवीं आपल्या कामगारांक सशक्त करपाक, शिकपाची आनी फुडें वचपाची नवी संद सुनिश्चीत करपाक कटिबद्ध आसा अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला.

## Singh

संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंह् फाल्या नवी दिल्लीत देशातल्या संरक्षण उत्पादनातल्या संधींचेर राष्ट्रीय स्तरावेल्या परिषदेचे उक्तावण करतले.संरक्षण मंत्रालय आणि राज्य आणि केंद्रशासित प्रदेश सरकारांमदी समन्वय मजबूत करपाक ही परिषद एक केंद्रित माची प्रदान करतली जाचो उद्देश संरक्षण उत्पादनात स्वयंपूर्णता प्राप्त करपाच्या राष्ट्रीय ध्येयाकडे प्रादेशिक औद्योगिक धोरणा आणि मुळाव्या सुविधाचो विकास संरेखित करप आसा. या कार्यक्रमा वेळार सिंह् नवीन संरक्षण एक्झिम पोर्टल लाँच करतले. स्वदेशीकरणाक चालना दिवपाक, संरक्षण निर्यात वाडोवपाक आणि या क्षेत्रात गुंतवणूकीक प्रोत्साहन दिवपाक  सुरु आशिल्या राष्ट्रीय प्रयत्नांर लेगीत उजवाड घालतले

## Gadkari

रस्ते येरादारी आणि महामार्ग मंत्री नितीन गडकरी यांनी आज सांगले की, भारताक विकसित राष्ट्र करपाक  आकांक्षा बाळगीता आणि हे ध्येय साध्य करपाक शिक्षण क्षेत्राक बळकटी दिवप महत्त्वाचे आसा. खंयच्याय देशाक उत्कृष्ट कामगिरी करपाक शिक्षण अत्यंत महत्त्वाचे आसा हाचेर मंत्र्यांन भर दिलो.  गडकरी यांनी अधोरेखित केले की, भारतात जगातली सगळयात चड तरणी, प्रतिभावान, प्रशिक्षित आणि कुशल अभियांत्रिकी मनुष्यबळ आसा भारताक स्वावलंबी राष्ट्र करपाक मंत्र्यांनी सगळयांक 'वेस्ट टू वेल्थ' आणि 'नॉलेज टू वेल्थ' या मंत्रान एकठाय काम कर पाचे आवाहन केले.

आकाशवाणी पणजी केंद्र कंत्राटी पद्धतीचेर खबरा वाचका खातीर अर्ज मागयता. पदवी धर कोंकणी भाशेचे पुराय गिन्यान तशेच भाषांतर करपाचेर प्रभुत्व आसप गरजेचे. अर्ज पावपाची निमणी तारीख 20 oct  आसा. अधिक माहिती खातीर आकाशवाणीच्या खबरा विभागा कडे संपर्क साधचो.

कला आनी संस्कृती संचालनालय, गोंय आनी भारतीय सांस्कृतीक संबंद मंडळ (आय सी सी आर), नवी दिल्ली संयुक्तपणान धावो भारत आंतरराष्ट्रीय लोक महोत्सव 2025 घडोवन हाडटले.ह्या महोत्सवाचें उक्तावण कला आनी संस्कृती मंत्री रमेश तवडकर 07 ऑक्टोबरक मास्टर दीनानाथ मंगेशकर सभाघर, कला अकादमी, पणजी हांगा 5.00 क करतले. पोलंड, माल्टा आनी गोंयांतले लोक नाच पंगड आनी संगीत पंगड ह्या महोत्सवांत लोकनाच आनी संगीत फ्यूजन आणि मैफली सादर करतले. लोकनाच, चैतन्यशील संगीत आनी नाचाच्या जागतीक परंपरेची गिरेस्त विविधताय,आणि विविधतायेंतल्या एकचाराचें सार सोबीतपणान दाखोवन हो महोत्सव मनयतले. सांजवेळार मंत्रमुग्ध करपी सादरीकरणां आसतलीं: गीत आनी नाच पगड झिमिया बायडगोस्का (पोलंड) फ्युजन लोक गट 'कांतेरा' (माल्टा), समां आनी देखणी (गोंय), घुमट प्रतिध्वनी द रिदम्स ऑफ गोवा हानचे सादरीकरण आसतले. ह्या कार्यावळींतल्यान आंतरराष्ट्रीय सांस्कृतीक आदान-प्रदानाची संद मेळटली आनी जागतीक सांस्कृतीक कार्यावळींचें केंद्र म्हूण गोंयचो प्रसार जातलो आनी आंतरराष्ट्रीय समुदायां मदले द्विपक्षीय संस्कृतीक संबंद घटमूट जातले.

भारतीय रिझरव बँकेच्या म्हणण्या प्रमाण तुमच्या निष्क्रिय बँक खात्यांतले पयशे (2 वर्सां परस चड आनी 10 वर्सां परस उण्या काळांत निष्क्रिय आशिले खातें) आनी 10 वर्सां परस चड दावो नाशिल्लीं ठेवी आरबीआयच्या डीईए निधींत हस्तांतरीत करतात. तुमी वा तुमचो कायदेशीर वारसदार खंयच्याय वेळार ताचो दावो करूंक शकतात.तुमच्या पयशांचेर दावो करपाक 3 सोपी पावलां..

बँकेच्या खंयच्याय शाखेक भेट दिवची, जरी तो तुमचो सदची शाखा नासली तरी केवायसी दस्तावेजां वांगडा फॉर्म सादर करचो (kyc मदी आधार, पासपोर्ट , मतदार वळख पत्र , वा ड्रायव्हिंग परवानो ह्याचे पैकी एक ) सत्यापन केल्या उपरांत, व्याजा वांगडा ठेव परत मेळटली

आणिक एक करपाक शकता

तुमच्या बँकेचे संकेतथळ सोदा वा आरबीआयच्या उद्गम पोर्टलाक भेट दिवची, जातूंत सध्या 30 बँको आसपावतात.

ऑक्टोबर ते डिसेंबर ह्या काळांत देशांतल्या सगळया जिल्ह्यांनी आयोजीत जावपी दावो न केल्ल्या मालमत्तेच्या खासा शिबिरांक भेट दिव येता

## बिहार

मुखेल वेंचणूक आयुक्त ज्ञानेश कुमार हानी सांगला की  बिहारांत वट्ट 243 विधानसभा मतदारसंघ आसात, तातूंतले 38 अनुसुचीत जाती खातीर आनी 2 अनुसुचीत जमाती खातीर राखून दवरल्यात. वट्ट मतदारांची संख्या सुमार 7.42 कोटी आसा. वेचणूक स, अकरा आनी चवदा अशा  तीन पावड्यांनी जातली

ओल्ड गोवा फेरी सेवा धक्क्याचे दुरूस्ती काम करपा खातीर ह्या मार्गा वयली फेरी सेवा 6 ऑक्टेबर ते 19 नोव्हेंबर  मेरेन बंद आसतली. ह्या काळात सापेंद्र-दिवाडी फेरी मार्गार चार फेरी बोटी चालू आसतल्यो. फेरी सेवेचो वापर करपी लोकांनी हाची नोंद घेवन फेरी सेवा सुरळीत पणान चलपा खातीर सहकार्य करचे , अशें न्हंय येरादारी खात्यान कळीत केला.

बीपीएस रँकिंग बॅडमिंटन सर्तींत मयंक राज आनी यास्मीन सैयद हांणी सी. के शाहीन आन रितीका चेललूरि ह्या जोडयेक आव्हान दिला. बीपीएस स्पोर्ट्स क्लब, मडगांव हे संस्थेन गोवा बॅडमिंटन असोसिएशनाच्या सहकार्यान ही सर्त घडोवन हाडली
दादल्यांच्या एकोडी  सर्तींत निशांत शेणई आनी अर्जन भगत, आनी बायलांच्या एकोडी सर्तींत सुफिया शेख आनी अंजना कुमारी फायनलींत पावल्या.
गोंयची प्रतिमा वेलीप आनी उदेश माजिक हाणी आयतारा जाल्ले 14व्या मॉडर्न पॅनटे थलॉन राष्ट्रीय  ट्रायथलॉन चॅम्पियनशिपांत कांस्य पदकां जिखली. मध्य प्रदेशांतल्या इंदौर शारांत ही सर्त चालू आसा. सिनियर बायलांच्या ट्रायथलॉन सर्तींत प्रतिक्षा वेलीप 18.57 मिनटांचो वेळ नोंद करून  तिसरो क्रमांक मेळयलो. कनिश्ट दादल्यांच्या ट्रायथलॉन सर्तींत उदेश माजिक हाणें कांस्य पदक जिखलें. ताणें 13.42 मिनटांचो वेळ नोंदयलो.

## Sports

नवी दिल्लींत जाल्ल्या संवसारीक पॅरा एथलेटिक्स सर्तींत भारतान 22 पदकां जिखून आपली मोहीम सोंपयली, तातूंत 6 भांगरा, 9 रुप्या आनी 7 कांस्य पदकांचो आस्पाव आसा .

हवामान

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान 31.3  डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान 24 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला. राज्यात फुडले काय दिस काय वाठरांनी ह्ल्को ते मध्यम  प्रमाणात पावस पडू येता .वारे वराक 45  ते 55 किलो मिटर वेगान व्हावतले ताचो वेग 65 किलोमीटर इतलो वाडू येता अशे वेधशाळेन कळीत केला आकाशवाणी न्यूजा कडेन उलयतना आयएमडीचे वरिश्ठ शास्त्रज्ञ डॉ.आर. के जेनामानी  हांणी सांगळे कि फाल्यां सावन राष्ट्रीय राजधानीत पावसाच्या प्रमाणांत उणाव येतलो

भारतिय हवामान खात्यान आयज जम्मू काश्मीर, उत्तराखंड, पंजाब, हरियाणा, आनी दिल्ली एनसीआरात काय  सुवातिनी  पावस पडपाचो अदमास काडला. दिल्ली आनी लागसारच्या वाठारांनीय आयज गाराची परिस्थिती येवपाची शक्यताय आसा.